**गोंय स्कॉलर्स येवजणेखाला 2020-21 वर्साखातीर तीस विद्यार्थ्यांची निवड**

ता. 21 डिसेंबर 2021

मनोहर पर्रीकर गोंय स्कॉलर येवजण 2018 खाला 2020-21 शिक्षणीक वर्सा खातीर गोंय स्कॉलर्स म्हूण 30 प्रतिभावंतांची निवड केल्या. आदले मुख्यमंत्री मनोहर पर्रीकर हांची संकल्पना आशिल्ली गोंय सरकाराची गोंय स्कॉलर येवजण उच्च शिक्षण संचालनालयावतीन राबयतात. गोंयांतल्या गुणेस्त आनी प्रतिभावंत विद्यार्थ्यांक वळखवप, तांकां भारत आनी विदेशांतलीं नामनेचीं विद्यापिठां आनी उच्च शिक्षण संस्थांनी पदव्युत्तर आनी विद्यावाचस्पती पदवेचो अभ्यास करपाक उर्बा दिवप हो हे येवजणेचो उद्देश आसा.

2020-21 शिक्षणीक वर्सा खातीर ह्या येवजणे खाल 160 विद्यार्थ्यांनी अर्ज केल्ले. निवड समितीन 30 पात्र विद्यार्थ्यांची निवड केल्या. निवड जाल्ल्या गोंय स्कॉलरां मदीं संगणक विज्ञान, वागणूक आनी ज्ञान आकलन न्युरोसायन्स, अभियांत्रिकी, भौतीक शास्त्र, वेवस्थापन, सांखिकी, वैजकी तंत्रज्ञान, रसायनशास्त्र, मायक्रोबायलोजी, फार्मास्युटिकल, लिंग्विस्टिक, गव्हर्नन्स आनी लोक धोरण अशां अभ्यासक्रमांच्या विद्यार्थ्यांचो आसपाव आसा.

निवड जाल्ले विद्यार्थी अशें- ज्युलियन रूबीन डिकॉस्ता, राघवेंद्र नागराज वेर्णेकर, प्रणव अजय खडपे, वेद श्रीवल्लभ दुभाषी, दिपेन सोळंकी, श्रृती मुखर्जी, तरूण द मारिया मास्कारेन्हस, राजस प्रेमानंद च्यारी, वासू मोहन गुप्ता, बर्निस जेसीका डिसौझा, आरती अशोक जोशी, अनुष्का अमरनाथ पणजीकर, शाश्वत नितीन सिनाय साळगांवकर, रूबीन अरविंद राजाध्यक्ष, मनप्रित कौर, वैभव विवेक कामत, श्रीनिधी शरद पवार, श्रेयस सुधीर परब, संपदा विजयकुमार शेंदुरे, मानसी दिपक कामत, शांतादुर्गा राजीव देसाय, अभिजीत नरसिंह मार्कंडे, सिद्धांत प्रेमानंद फडते, शर्मद सुनिल प्रभू वेर्लेकर, लिओ फ्रान्सिस्को ब्लेज डिसौझा, प्राची रंगनाथ नाईक, राहूल फर्नांदो फाल्कांव द गामा पयस, चार्मिन लोरेता फर्नांडिस, रश्मी साशा व्हिएगस आनी शरोनी शर्मा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1070

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji